Panaji National 23rd May 2025 8.40am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत रायजिंग नॉर्थ ईस्ट इन्व्हेस्टर्स समिटाचें उक्तावण करतले.

केंद्रीय अन्वेषण ब्युरो (सीबीआय)न  जम्मू-काश्मीराचे आदले  राज्यपाल सत्यपाल मलिक आनी हेर पांच जाणां आड किरू जलविद्युत प्रकल्पांत भ्रश्टाचार केल्ल्या प्रकरणात केस नोंद केल्या.

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन कोंकण आनी गोंयात घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

आईपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती जाल्ल्या खेळात लखनऊ सुपर जायंट्स पंगडान गुजरात टाइटंस पंगडाक 33 धावंड्यांनी हारयले.

PM NORTHEAST SUMMIT - 100

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत रायजिंग नॉर्थ ईस्ट इन्व्हेस्टर्स समिटाचें उक्तावण करतले. ह्या दोन दिसांच्या शिखर परिषदेचे उद्दिष्ट ईशान्येकडल्या प्रदेशाक संधींची भूमी म्हणून अधोरेखित करप आनी जागतिक आणि स्थानिक गुंतवणूक आकर्षित करप हो आसा. ह्या शिखर सभेंत मंत्रीस्तरीय सत्रा, बिझनेस-टू-गव्हन्मेंट सत्रा आनी बसका, स्टार्टअप्स आणि धोरणांचे प्रदर्शन आनी राज्य सरकार आणि केंद्रीय मंत्रालयांनी हातांत घेतिल्ल्या धोरणांचे आणि संबंधित उपक्रमांचो आस्पाव आसा.

गुंतवणूक प्रोत्साहनाच्या मुख्य क्षेत्रांमधी पर्यटन आणि आदरातिथ्य, पर्यटन आणि आदरातिथ्य,वस्त्रोद्योग, हातमाग आणि हस्तकला; आरोग्यसेवा; शिक्षण आणि कौशल्य विकास; माहिती तंत्रज्ञान किंवा माहिती तंत्रज्ञान सक्षम सेवा; पायाभूत सुविधा आणि लॉजिस्टिक्स; ऊर्जा; आनी मनरिजवण आनी खेळांचो आस्पाव जाता.

CBI - SATYA PAL MALIK - 90

केंद्रीय अन्वेषण ब्युरो (सीबीआय)न  जम्मू-काश्मीराचे आदले  राज्यपाल सत्यपाल मलिक आनी हेर पांच जाणां आड किरू जलविद्युत प्रकल्पांत भ्रश्टाचार केल्ल्या प्रकरणात केस नोंद केल्या. २०२२ त, जम्मू आणि काश्मीर सरकारान  किरू जलविद्युत प्रकल्पात २,२०० कोटी रुपयांच्या बांधकाम कामाच्या कंत्राटात कथित भ्रष्टाचाराची सीबीआयक चौकशी करपाची विनंती केललि. 2024 वर्सा सीबीआयन दिल्ली आनी जम्मूत आठ सुवातींनी छापे मारिल्ले. ज्या हेर व्यक्तीं आड आरोपपत्र दाखल केलां तातूंत चेनाब व्हॅली पॉवर प्रकल्पांचे तेन्नाचे अध्यक्ष नवीन कुमार चौधरी आनी बांदकाम कंपनी पटेल इंजिनियरिंग लिमिटेड त्या भायर हेर अधिकारी एमएस बाबू, एमके मित्तल आनी अरुण कुमार मिश्रा हांचो आस्पाव आसा.

रश्मि 110

आमच्या भारत देशाकडे  गिरेस्त संस्कृताय तशेचं  इतिहासिक दायज  आसा, तशेंच प्राचीन आर्युवेदा उपचार पध्दत, गणितशास्त्र, खगोलशास्त्र,वास्तुशास्त्र,वेगवेगळी कला , कुशळटाय हातुन  भारत जागात  पयल्या पावंड्यार आसा. ह्या खाशेलपणाक लागुन जग भारताकडे  सन्मानान पळयता. आनी हाकाच लागुन जण एक भारतीयाक हे  दायज सांभाळून दवरपाची गरज आसा अशे मत  उप राश्ट्रपती जगदीप धनखर हांणी उक्तायले.  उप -राश्ट्रपती जगदीप धनखर हांच्या हस्तुकी  चिकीत्सेचे जनक  आचार्य सुश्रुत तशेंच आर्युवेदाचे जनक आचार्य चरक हांच्या पुतळ्याचे काल  अनावरण जाले. हे शिवाय वामन वृक्ष कला उद्यान ह्या 1008 बोन्साय झाडा आशिल्लया गार्डनाचे उक्तावण जाले ते वेळार ते उलयताले.

भारत देश आकांतादाक कशेच खपोवन घेवचो ना .प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला दुसमानांक चोख उत्तर दिवपाक भारत सक्षम आसा अशे उप-राश्ट्रपती धनखर हाणी म्हणले.

DIP 100

उपरांत उप राश्ट्रपती जगदीप धनखर हाणी काल आयसीएआर-सेंट्रल कोस्टल एग्रीकल्चरल रिसर्च इन्स्टिटट्यूट (CCARI) हांगाच्या शास्त्रज्ञ आनी शेतकारां कडेन संवाद सादतना शेतकारांच्या भुमिकेंत मुळावो बदल करचो,पिकाच्या उत्पादनापरस मुखार सरून पुराय शेतकी मोल साखळीची - मार्केटींग ते मोल जोडप मेरेन मालकी घेवचो तशेच  तळागाळांतल्यान नवनिर्माण आनी अर्थीक उदरगत चालीक लावपी "शेतकी उद्देजक" () हांची गरज आसा असो उलो    मारलो.

शेतकी संबंदीत उद्देगां विशी ताणी नदरेक हाडलें की शेतकार प्रक्रिया वा विपणनांत वांटो घेना जाल्यार ग्रामीण अर्थवेवस्थेक त्रास जाता. शेतकारांनी फकत दूद विकचें न्हय, तर धय, ताक, गोड पदार्थ आनी आइसक्रीम तयार करून विकचें अशें सांगून पुर्विल्ल्या भारतांतल्या स्वयंपूर्ण ग्रामीण अर्थव्यवस्थांकडे परतुपाचे आवाहन तांणी केले.

UK Chagos – 60

ब्रिटनान वादग्रस्त आणि रणनीतीक दृष्ट्या महत्त्वाच्या चागोस जुंव्याचे सार्वभौमत्व मॉरिशसाक सुपूर्द करपाखातीर कराराचेर स्वाक्षरी केल्या. ब्रिटीश सरकारान सांगलें, हे कृती वरवीं ब्रिटीश सुरक्षा खातीर म्हत्वाचो अमेरिकेचो आनी ब्रिटनाचो लश्करी तळाचो फुडार सुनिश्चीत जाता. कराराअंतर्गत, ब्रिटन मॉरिशसाक ९९ वर्सां खातीर तळ भाड्यान दिवपा खातीर दरवरसा १३६ दशलक्ष डॉलर्स दितले.

ब्रिटन चे प्रधानमंत्री कीर स्टारमर हांणी ही कबलात ब्रिटनाच्या राश्ट्रीय हितांत आसा अशें सांगलें.

MEA Chagos – 45

डिएगो गार्सिया सयत चागोस द्वीपसमूहाचेर मॉरिशसाचें सार्वभौमत्व परत येवपाविशीं ब्रिटन आनी मॉरिशस हांचेमदीं जाल्ल्या कबलातिक भारतान येवकार दिला. हे द्विपक्षीय कबलाती वरवीं बऱ्याच काळासावन चलत आयिल्ल्या चागोस वादाचे औपचारीक निवारण हो एक वाट चिरो आनी ह्या वाठारा खातीर एक सकारात्मक घडणूक अशें परराश्ट्र मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां.

Jeetendra 70

भारताच्या ध्रुवीय आनी दर्या संशोधन क्षमतेक  महत्त्वपूर्ण चालना दितना गोंयांतल्या नॅशनल सेंटर फॉर पोलर अँड ओशन रिसर्च (NCPOR) हांगा काल  ध्रुवीय भवन आनी सागर भवनाचें उक्तावण पृथ्वी विज्ञान आनी विज्ञान आनी तंत्रज्ञान राज्यमंत्री जितेंद्र सिंग ह्यांच्या हसतुकी जाले. महासागर आणि हवामान बदलाच्या भू-राजकीयतेर जागतिक लक्ष केंद्रित करून, मंत्र्यांनी भारताच्या "ब्लू इकॉनॉमी" क मुखार व्हरपाक आणि खोल महासागर मोहिमेक तेको दीवपाक  NCPOR ची धोरणात्मक भूमिका  अधोरेखित केली.

Gadkari – 55

केंद्रीय येरादारी रस्तो आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी आज नव्या झुवारी पुलाचेर बांदपा आशिल्लया Eiffel Tower-inspired observatory tower आनी viewing gallary चो बुनयाद घालतले. चिखली सभाघरात सांजेच्या ६ वराचेंर हि कार्यावळ जातली. ह्या टावराखातीर २७०.०७ कोटी रुपया इतलो खर्च येतलो. हो प्रकल्प

भौशिक, खासगी भागीदारी ह्या तत्वाचेर बांदतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.

IMD – 60

भारतीय हवामान खाते  (IMD)न  फाल्यां मेरेन कोंकण आनी गोंयात उटनगार ते अती  उटनगाराच्या पावसाचो अदमास उक्तायला. तशेंच फुडल्या दोन ते तीन दिसांक कर्नाटक, मध्य महाराष्ट्र, अंदमान आनी निकोबार जुंवे, अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, छत्तीसगड, गंगेटिक अस्तंत बंगाल आनी गुजरातात मुसळधार  ते अति मुसळधार पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. झारखंड, केरळ, माहे, लक्षद्वीप, मराठवाडा आनी उत्तराखंडात अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा.

MUMBAI WEATHER - 80

भारतीय हवामान खात्यान आयज आनी फाल्यां  मुंबयत ऑरेंज अलर्ट जारी केला. गडगड आनी वराक 50 ते 60 किलोमीटर वारें मारपा बरोबरच  घोग्यांनी ते  अति मुसळधार  पावस पडपाची शिटकावणी हवामान खात्यान दिल्या. तशेंच आयएमडीन ठाणे, पालघर, सिंधुदुर्ग तशेंच पुणे आनी साताराच्या घाटांचेर गडगड आनी वादळी वारें हांचे संयत  मुसळधार ते अति मुसळधार पावस पडपाचो अदमास उक्तावण ऑरेंज अलर्ट जारी केला.

आईपीएल - 55

आईपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती जाल्ल्या खेळात लखनऊ सुपर जायंट्स पंगडान गुजरात टाइटंस पंगडाक 33 धावंड्यांनी हारयले.

पयली फलंदाजी करताना लखनौ पंगडान निर्धारित २० षटकांत २ बाद २३५ धावंड्यो केल्यो. उपरांत, गुजरात पंगडाक फकत २०२ धावंड्योच  करप शक्य जाले.

आयज लखनौत रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरू आनी सनरायझर्स हैदराबाद पंगडामदी खेळ जातलो. हो खेळ  सांजवेळार  ७.३०क सुरु  जातलो.